रवींद्र केळेकार जल्मशताब्दी वर्स 1925 - 2025
मनोहरराय सरदेसाय जल्मशताब्दी वर्स 1925 - 2025

# कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग,
विद्यानगर- मडगांव, गोंय 403 601

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय स्थापना 1962
रजि. नं. 341/63

सेवेक, तारीखः 20/07/2024

मुख्याध्यापक / मुख्याध्यापिका,

**विशय: 23वी शणै गोंयबाब कथामाळ सर्त 24 ऑगस्टाक.**

भोवमानेस्त,

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय, गेलीं साबार वर्सां शणै गोंयबाब कथामाळ ही कोंकणी कथाकथन सर्त घडोवन हाडटा. ही सर्त फाटल्या कांय वर्सां सावन आमी शालेय पांवड्यार सुरू केल्या. ही सर्त पयली ते चवथी, पांचवी ते सातवी आनी आठवी ते धावी ह्या तीन गटांनी जातली. दर वर्सा प्रमाणें, अंदूंय हे सर्तींत **विशेश क्षमतेच्या विद्यार्थ्यांक** काणी सांगपाची संद आसा.

तुमच्या विद्यालयांत ह्या तीन गटांनी ही सर्त तुमी घेवची आनी पयल्या दोन जैतीवंत सर्तकांक तुमी केंद्र पांवड्या वयल्या सर्तींत धाडचें अशें आमी नमळायेन मागतात. **शालेय पांवड्या वयले सर्तींत वांटेकार जावपी सर्तकांची वळेरी आनी आंकडो तुमचे निशाणेन सर्तीच्या केंद्रार दिल्यार, आमी त्या सर्तकांचीं प्रमाणपत्रां तुमकां केंद्रारच दितले. विशेश क्षमतेच्या विद्यार्थ्यांनी केंद्र पांवड्या वयले सर्तींत वांटो घेतल्यार तांकां प्रमाणपत्र आनी भेट मंडळ भेटयतले.**

**अंदूं मंडळान काणी लेखना खातीर इनामां दवरल्यांत.** खासा सर्ती खातीर नवी काणी पालक, शिक्षक वा हेर कोणेंय बरयिल्ली आसत जाल्यार त्या त्या केंद्रा वयल्या कथामाळ संयोजकाक काणये सयत संपर्क करचो. **काणी लेखन सर्तींत वांटेकार जावपाचो अर्ज पत्रा** सांगाताक जोडला.

**केंद्र पांवड्या वयली ही सर्त गोंयभरच्या 12 तालुक्यांनी 18 केंद्रांनी शेनवार, 24 ऑगस्ट 2024 ह्या दिसा जातली**. केंद्रां विशींची माहिती पत्रा सांगाताक जोडल्या. तुमच्या विद्यालयांतल्या विद्यार्थ्याक लागीं पडटा त्या केंद्राचेर वचून काणी सादर करूं येता. ह्या पत्रा वांगडा **सर्तीचे नेम आनी वांटेकार जावपा खातीरचे अर्ज** जोडल्यात. तुमी **हे अर्ज भरून सर्ती दिसा केंद्रार दिवचे** अशें मागतां. विशेश क्षमतेच्या विद्यार्थ्याक अडचण जावची न्ही म्हणून ताका सगळयांत पयली काणी सांगपाची संद दितले. अदीक माहिती खातीर संपर्क – 9049750869 (शलाका देसाय), 9834656718 (यतीन नायक).

बरें मागून,

शलाका देसाय,
संयोजक,
शणै गोंयबाब कथामाळ 2024

**चत्रायः सर्तकांनी दिल्ल्या वेळाच्या फकत 10 ते 15 मिणटां आदीं सर्तीच्या थळाचेर पावचें. बेगीन पावल्यार जंय सर्त आयोजीत जाता ते शाळेक आनी आयोजकांक त्रास जाता देखून तुमच्या सहकार्याची आस्त बाळगितात.**

Konkani Bhavan, Shankar Bhandari Marg, Vidyanagar- Margao, Goa 403601
• www.konkanibhashamandal.com • konkanibhashamandal.goa@gmail.com
www.facebook.com/konkanibhashamandal.goa • www.instagram.com/konkani_bhasha_mandal
• www.youtube.com/konkanibhashamandal • Ph.: 0832-2750585 Mobille: 7262837442